**गोंयच्या निर्यातीक चालना दिवपाखातीर गोंय सरकाराची नवातीस सोल्युशन्स कंपनीवांगडा समजीकाय कबलात**

**पणजी: 29 ऑगस्ट 2022**

गोंय सरकाराच्या उद्‌देग, वेपार आनी वाणिज्य संचालनालयान गोंयांतल्यान निर्यात वाडोवपाखातीर नवातीस सोल्युशन्स प्रायव्हेट लिमिटेड वांगडा समजीकाय कबलात केल्या. उत्पादन/वेपार/वस्तू आनी सेवा अशां दोनीय मळार गोंयची निर्यात वाडोवन राज्याची निर्यात येणावळ वाडोवपाच्या उद्‌देशान ही कबलात केल्या. ह्या कबलाती प्रमाण कंपनीवतीन गोंयच्या उद्देगांची म्हत्त्वाच्या क्षेत्रांकडेन वळख करप, आवश्यक डेटा विश्लेशण, मार्केट इंटेलिजन्स आनी हेर सहकार्य करून तांच्या उत्पादनांखातीर  खरेदीदार सोदपाक मदत करप आनी निर्यात येणावळ वाडोवपाचे प्रयत्न जातले.

नवातीस सोल्युशन्स प्रायव्हेट लिमिटेड ह्या कंपनीचे बंगळुरू हांगा नोंदणीकृत कार्यालय आसून डेटा ॲनालिटिक्स, तंत्रज्ञान आना एंगेजमेंट टूल्स ह्या क्षेत्रांत संपनीची कुशळटाय आसा आनी गोंयच्या निर्यातदार वेवसायिकांक नवीन बाजारपेठ उपलब्ध करून दिवपाक ताचो फायदो जातलो.

ह्या कबलाती अंतर्गत कंपनी आनी सरकार सध्या निर्यात करपी क्षेत्रांची वळख करून दिवप, संभाव्य उद्‌देग/वेवसायांचो सोद घेवप,  निर्यात करपाची तांक वाडोवपाखातीर कार्यक्रम तयार करपाच्या येवजणांचेर काम करतले. राज्यात खाजगी मळार रोजगाराच्यो संदी वाडोवपाच्या दिकेन हे म्हत्वाचे पावल आसा.  सरकारान राज्यांत वेवसाय सुलभता (EoDB) सुदारपाचेर लक्ष केंद्रित केल्ले आसून भारत सरकारच्या वाणिज्य मंत्रालयान प्रकाशीत केल्ल्या EoDB वळेरींत राज्य आठव्या नंबराचेर आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/499

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji